राजश्री कामत प्रादेशिक खबरो

०२०३२०२६ @ ७.२० pm

नूतनीकरण केल्ल्या फोंडा नगरपालिकेच्या ग्रंथालय आनी ई-वाचनालयाचे क्तावण मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हानी केले

पणजी शिगमोत्सव समिती वतीन ३ ते ८ मार्च मजगतीं ३७ व्या शिगमोत्सवा निमतान तरेकवार कार्यावळीचे आयोजन केला

गोंय बायलां आयोगान दक्षिण गोंय ग्रामीण उदरगत मंडळाच्या बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयाच्या आदारान आयज संवसारीक बायलां दिस सुवाळो मनयलो

राजस्थानात उदयपुरात जाल्या पयल्या अखिल भारतीय उजो पालोवपी सेवा खेळा सर्तींत गोयच्या उजो पालोव्पी जवानांनी उलेखनीय कामगिरी करत वटट ९ पद्का जीख्ली

प्रसाद/DIP 190

भांडवली गुंतवणूक 2023-24 खातीर राज्यांक खास मजत, ह्या येवजणे अंतर्गत नूतनीकरण केल्ल्या फोंडा नगरपालिकेच्या ग्रंथालय आनी ई-वाचनालयाचे क्तावण मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हानी केले. ग्रंथालयांनी आधुनिक सुविधां उपलब्ध करून ग्रंथालयांचो दर्जो सुदारप हो ह्या येवजणेचो उद्देश आसा. हो उपक्रम भौशीक ग्रंथालयांचे आधुनिकीकरण आनी शिक्षण संसाधनांची सुविधा सुदारपा खातीरच्या राज्य सरकारच्या वचनबद्धतेची देख आसा.

हो प्रकल्प भौतिक मुळाव्या सुविधांनी सुदारणा करप, डिजिटल सुविधा सुरू करप आनी ज्ञान आनी शिक्षणाच्या मळार भौशीक प्रवेश वाडोवपाचेर लक्ष केंद्रित करता. सरकारन गोंयांत

168 ग्रंथालयांचे आधुनिकीकरण करपाची मोख दवरल्या आनी तातूंतल्या 20 ग्रंथालयांचे काम आदीच पूराय जाल्ले आसा. डिजिटल शिक्षणाच्या संदींक प्रोत्साहन दिवपा खातीर आनी ग्रामीण आनी शारी भागांमदले प्रवेश अंतर भरून काडपा खातीर केंद्र सरकारच्या मजतीन ई-वाचनालयाक सहकार्य करतात. वाचन संस्कृतीत सहभाग वाडोवपा खातीर ज्येश्ठ नागरिकांक लेगीत प्रोत्साहन दिवपाचे उपक्रम घेतात.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयच्या युगात अद्ययावत रावपा खातीर आधुनिक ग्रंथालयांनी पारंपरिक वाचन संस्कृतीक डिजिटल माच्येची जोड दिवपाची गरज उक्तायली. तांणी विद्यार्थ्यांक गोंय लोकसेवा आयोग आनी केंद्रीय लोकसेवा आयोगाच्या स्पर्धा परीक्षांच्या तयारी खातीर ई-लायब्ररी सुविधांचो उपेग करपाक सांगले. मुख्यमंत्र्यान शिक्षण, कुशळटाय विकास आनी वाचन संस्कृती मदली गुंतवणूक ही 2047 मेरेनच्या विकसित भारताची बुन्याद आशिल्ल्याचें सांगून सुलभ ज्ञान सुविधांवरवीं मानवी विकासाक बळ मेळटा, अशें सांगलें.

Ganesh 170

पणजी शिगमोत्सव समिती वतीन ३ ते ८ मार्च मजगतीं ३७ व्या शिगमोत्सवा निमतान तरेकवार कार्यावळीचे आयोजन केला. ३ तारखेर आझाद मैदानार गुलालोत्सव जातलो. जाल्यार ७ मार्चाक पोरणें सचिवालय ते कांपाल मैदान मेरेन चित्ररथ मिरवणुकेचें आयोजन केल्ल्याची म्हायती समितीचे अध्यक्ष श्रीनिवास धेंपो हांणी दिली. सोमारा पणजे जाल्ले पत्रकार परिशदेंत ते उलयताले. हे वेळार शांताराम नायक, मंगलदास नायक आनी किशोर नार्वेकार हाजीर आशिल्ले.

मंगळारा ३ मार्चाक सकाळीं ९.३० वरांचेर श्री महालक्ष्मीचें दर्शन घेवन परंपरीक रोमटामेळ आझाद मैदानार पावतलो. उपरांत आझाद मैदानाचेर रंगपंचम जातली. ४ मार्चाक सांजेवेळार सात वरांचेर आझाद मैदानार संगीताची कार्यावळ जातली. ५ मार्चाक सिद्धकला, ६ तारखेक सुरसंगम, ७वेर दोन 'यो घर तुमचेंच' हें कोंकणी नाटक जाल्यार ८ मार्चाक 'लावण्यखणी' हे कार्यावळीचें आयोजन केलां. मिरवणुकेंत शिस्त येवचे खातीर अंदूं चडांत चड १५० जाणांकूच परवानगी दितले. रोमटामेळ लॉटरी पद्धतीन निवडटले. हे खातीर इत्सुकांनी ४ मार्चाक समितीच्या पणजेच्या कार्यालयांत सकाळीं १० ते दनपरां १ मजगतीं हाजीर रावचे.

अंदूंच्या शिगमोत्सवांत वेगवेगळया मळार वट्ट १०.५७ लाख रुपयांची इनामां दितले. अंदूं समिती वतीन उमकांत वाडकार, सुरेंद्र वळवयकार, मॅक्सी परेरा आनी अवधूत आंगले हांचो भोवमान जातलो.

सुशांत 120

मडगाव शिमगोत्सव समितीन आयोजीत केल्ल्या शिमगोत्सवाचें आयज मडगावच्या पिंपळा पेडाचेर नाल्ल पूजून उक्तावण जालें. समितीचे अध्यक्ष आनी भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत, समितीचे सचीव आनी आदले आमदार दामोदर नायक, नावेलीचे आमदार उल्हास तुयेकार, मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकर हांच्या हाजिरेंत आयज पेडार श्री दामोदराच्या पांयांर श्रीफळ ओपून या शिमगोत्सवाची सुरवात जाली. हे श्रीफळ समितीचे वरिश्ठ वांगडी अरुण रायकार हांणी ओपले. ते उपरांत हे श्रीफळ बँडाच्या तालार समितीच्या कार्यालयांत व्हरून थंय स्थापन केले. 12 मार्चाक शिमगोत्सव समितीच्या कार्यालयांत सत्यनारायण महापुजा जातली आनी शेनवारा 14 मार्चाक सांजवेळा 4 वरांचेर रोमटामेळ आनी चित्ररथांची मिरवणूक मडगाव जातली. ह्या शिमगोत्सवा निमतान समितीन जायत्यो सांस्कृतीक कार्यावळी घडोवन हाडल्यात. समितीचे अध्यक्ष दिगंबर कामत हांणी मडगावांतलो शिमगोत्सव हो एक प्रतिश्ठीत उत्सव अशें सांगलें. शिस्त पाळून तो मनवचो अशें ताणी सगळयांक आवाहन केलें.

राजेश 85

दिवचल तालुक्यात मये, साखळी आणि दिवचल या तिन्ही मतदारसंघातल्या भागांनी वर्सुकी पारंपरिक शिमगोत्सव आयजसावन सुरू जाता .साखळी मये,चोडण, मुळगाव, हरवळे ,वजरी,वीर्डी तशेच हेर सुवातानी पारंपारिक शिमगोत्सवाक सुरुवात जाता. दिवसाले मेणकुरे, मुळगाव साखळे हांगा देवी श्री सप्तशती भूमिका, गावठण ,कुडणे, नावेली ,अमोना, या भागानी देवस्थानचा पारंपारिक शिमगोत्सव आयजसावन गुढीपाडव्यामेरेन चालतलो .इतले मजगती कुडणेचो प्रसिद्ध असो गड्यांचो उत्सव चालू जाला आनी आयज ताची निमणी रात आसा. फाल्या दिवचल मतदारसंघातल्या साळ गावातले गडे उत्सव सुरु जातलो.साखळे हांगा देवी श्री सप्तशती भूमिका देवस्थानचो शिमगोत्सव सुरू जाता तो संवसार पाडवो मेरेन चलतलो.

DIP 20

नवनियुक्त गोंय लोकायुक्त न्यायाधीश  संदीप काशिनाथ शिंदे हांचो सोपूतविधी 4 मार्चाक सांजेच्या 5.00 वराचेर लोकभवन, दोनापावला हांगा जातलो, अशें दक्षता खात्यान कळीत केला.

सुभाष 100

धारबांदोडा गोवा मल्टी फॅक्लटी महाविद्यालयान विज्ञान , तत्रज्ञान आनी कोयर वेवस्थापन खात्याच्या पालवान दोन दिसांची राष्ट्रीय कार्यशाळा घडोवन हाडल्या. १३ आनी १४ मार्चाक जावपा आशिल्ल्या ' सायबर सुरक्षा आनी एथीकल हॅकींग ' ह्या विषयावेल्या ह्या कार्यशाळेंत राज्यातल्या उच्च माध्यमिक शाळांतले शिक्षक आनी विद्यार्थी वांटेकार जावंक शकतात अशें गोवा मल्टी फॅक्लटी महाविद्यालयान कळीत केलां. सायबर सुरक्षा संकल्पना , एथीकल हॅकींग पद्धती , चांचणी पद्धती आनी न्यायवैजक तपासणी अशा वेगवेगळ्या विषयांचेर ह्या कार्यशाळेत सत्रां जातली. उद्देग मळार सायबर सुरक्षा विषयाचेर येवपी आडमेळी आनी आव्हांना लेगीत ह्या कार्यशाळेंत चर्चेक येतली. इत्सूक शिक्षकांनी आनी विद्यार्थ्यांनी १० मार्च आदी ऑन लायन गुगल फॉर्मावरवी नोंदणी करचें अशें धारबांदोडेच्या गोवा मल्टी फॅक्लटी महाविद्यालयाच्या जाळवणदारांनी कळीत केलां.

सुशांत 240

गोंय बायलां आयोगान दक्षिण गोंय ग्रामीण उदरगत मंडळाच्या बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयाच्या आदारान आयज संवसारीक बायलां दिस सुवाळो मनयलो. ह्या निमतान मडगावांतल्या रवींद्र भवनांत बायलां खातीर मार्गदर्शन सत्र आनी भौशीक सुनावणी घडोवन हाडली. ह्या कार्यावळीचें उक्तावण भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत हांणी केलें. ह्या वेळार नावेलीचे आमदार उल्हास तुयेकार हेय हाजीर आशिल्ले. ह्यावेळार उलयतना कामत हांणी सांगले की,  सरकारान बायलांच्या समस्यां कडेन संवेदनशील रावपाची गरज आसा. केंद्र आनी राज्य सरकारांनी बायलांच्या उदरगती खातीर आनी सशक्तीकरणा खातीर वेगवेगळयो येवजण्यो आनी उपक्रम चालीक लायल्यात, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी बायलांक सशक्त करपाचो यत्न करतात. गांवगिऱ्या वाठारांतल्या बायलांक सशक्त करपाचेर ताणी लक्ष केंद्रीत केला अशे मत मांडले. गोंय बायलां आयोग खऱ्यांनीच बायलां खातीर बरो वावर करता

अशें सांगलें.सध्या देशांत आनी गोंयांत बायलांक जायत्या क्षेत्रांनी मुखार काडपाचे काम चालू आसा.दक्षिण गोंयांतल्या बायलांच्या एनजीओ खातीर एक खाशेलें केंद्र सुरू करून त्या केंद्रातल्यान बायलानी तयार केल्या उत्पादनांचें प्रदर्शन मांडप शक्य जातले अशे सांगले. ह्या कार्यावळीक मानाची सोयरी म्हूण गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्रीजची अध्यक्ष प्रतिमा धोंड हाजीर आशिल्ली. बायलांक अर्थीक नदरेन सशक्त जावप हीच वेळाची गरज आसा, हेर राज्यां परस गोंयांत बायलांची बरी उदरगत जाल्या अशें तिणें सांगलें.

गोंय बायलां आयोगाची अध्यक्ष रंजीता पै हांणी उलोवपात ही कार्यावळ घडोवन हाडपाचो हेत सांगलो. आपल्या कार्यकाळांत बायलांच्या प्रस्नां कडेन संबंदीत आशिल्ल्या 395 प्रकरणांचेर 1363 सुनावणी जाल्यो आनी 334 प्रकरणां सुटावी जाल्यात अशी म्हायती दिली.

MAHESH 40

राज्यांतल्या उत्तर गोंय जिल्ह्याच्या पणजी शार म्हामंडळा खातीर मतदान आनी मेजणी दिसां उत्तर गोंय जिल्ह्याच्या पणजी शाराच्या अधिकार क्षेत्रांतलीं सगळीं परवानो आशिल्लीं सोरो विक्री सुवाती 10, 11 आनी 13 मार्च, 2026 दिसा खातीर बंद उरतले अशें अर्थ खात्याच्या महसूल आनी नियंत्रण फाट्यान निर्देश दिल्या.

DIP 95

उत्तर गोंय जिल्हो न्यायदंडाधिका्यान 6 ते 27 मार्च मेरेन जावपी राज्य विधानसभेच्या अर्थसंकल्पी अधिवेशन सत्र काळांत पर्वरीच्या विधानसभा प्रकल्पा सरभोवतणच्या 500 मिटर वाठारांत आनी पणजी पुलीस स्टेशनाच्या क्षेत्रांतलो खंयचोय भौशीक जागो, पायण, गल्ली, रस्तो, चौक वा खंयच्याय उकत्या जाग्यांचेर पाच वा चड व्यक्ती जमा जावपाक आनी मिरवणूक काडपाक वा आयोजीत करपाक, शस्त्रां बाळगूपाक, लाऊडस्पिकराचो वापर करपाक, घोशणां दिवपाक आनी माराण लावपाक बंदी लागू केल्या. कामावयले लोकसेवक, परवानगी आशिल्ले लग्न सुवाळे, निमणे संस्कार वा खंयचोय खास प्रसंग संबंदीत जिल्हो न्यायदंडाधिकारी, अतिरिक्त जिल्हो न्यायदंडाधिकारी वा

उपविभागीय न्यायदंडाधिकाऱ्यां कडल्यान पुर्व लेखी परवानगी घेतल्या ताका ही बंदी लागू ना.

स्पोर्ट्स 20

राजस्थानात उदयपुरात जाल्या पयल्या अखिल भारतीय उजो पालोवपी सेवा खेळा सर्तीत गोयच्या उजो पालोव्पी जवानांनी उलेखनीय कामगिरी करत वटट ९ पद्का जीख्ली

वेदर 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान ३२.६ डिग्री सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २१.६ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.